**राज्यपाला हस्तुकीं राजभवनार व्यायामशाळेचे उक्तावण**

ता. 21 जून 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. भगतसिंह कोश्यारी हांच्या हस्तुकीं शेनवारा राजभवनातल्या कर्मचार्‍यांच्या सोयीखातीर सूरू केल्ल्या व्यायामशाळेचे उक्तावण जाले. पणजी म्हापालीकेचे महापौर श्री. रोहित मोन्सेरात आनी राजभवनातले अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

व्यायामशाळेत 5 लाख रूपया खर्च करून ट्रेडमिल, बेंच प्रेस, डंबेल, मशीन सायकलिंग आनी हेर उपकरणां उपलब्ध केल्यात.

कार्यक्रमाक खेळ आनी युवा वेव्हार खात्याचे सचीव हजर आशिल्ले.

ताचें पयली राज्यपालांन राजभवन प्रकल्पात 2.5 लाख रुपया खर्च करून उबारिल्ल्या बायोमिथेनेशन प्लांटाचे उक्तावण केले. प्रकल्पाचे बांदकाम फ्लायकॅचर टेक्नॉलॉजीज लिमिटेडान केला. कोयरापासून बायोमिथेन गॅस तयार करपात येतलो. ह्या प्रकल्पाक लागून कोयराची समस्या पयस जावपाक मदत जातली, अशी माहिती राज्यपालांचे सचिव श्री आर. मिहीर वर्धन हांणी दिली. महापालिकेचे अभियंते श्री. सचिन अंबे हांणी सीसीपीन पणजी शारांत वेगळ्या वेगळ्या जाग्यांचेर अशें १२ प्रकल्प उबारिल्ल्याची म्हायती दिली. राज्यपालांचे एडीसी श्री विश्राम बोरकर, महापालिका निरीक्षक श्री सुनील दास हेवूय ह्यावेळार हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/547

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji